# कोंकणी साहित्याच्यो सांस्कृतीक शिमो : भोंवडे-वर्णन आनी ललीत निबंद

प्रियदर्शिनी सु. तडकोडकार

कोंकणींतलीं भोंवडे वर्णनां आनी कोंकणी ललीत निबंद हांच्या आदारान कोंकणी संस्कृतायेच्यो शिमो सोदतना पयलीं 'संस्कृताय' म्हळ्यार कितें आनी भारतीय तशेंच कोंकणी संस्कृतायेच्यो मुखेल विशेशतायो खंयच्यो हें मतींत घेवप गरजेचें.

एके वटेन 'संस्कृताय' उतर पुराय मनीस कुळयेक आनी पुराय जिविताक वेंगायता जाल्यार दुसरे वटेन 'भारताची संस्कृताय', 'कोंकणी संस्कृताय', 'म्हगेल्या घराब्याची संस्कृताय' सारकेल्या प्रयोगां वरवीं ताका आमी अशीर करून उडयतात. उदेंत-अस्तंत, भारतीय-येवरोपी, हिंदू-मुसलमान, आर्य-द्रवीड, महाराष्ट्री-बंगाली असल्या उतरांनी तिका प्रादेशीक, धार्मीक, वांशीक आनी प्रांतीक अर्थांनी मर्यादीत करतात. पोरणी-नवी, मध्ययुगीन, कालची, फाल्यांची अश्या उतरांनी तिका शिमो घालतात. नागर, गांवगिरी, सरंजामदारी, भांडवलदारी असल्याय विशेशणांनी तिचें वेगळेपण थारायल्लें दिसता. भौतीक, आध्यात्मीक, विज्ञानीक अशा उतरांनी तिचेमदल्या घटकांचें वेगळेपण दाखयतात. 'सांस्कृतीक' ह्या उतरांत संस्कृतायेच्या वेगळ्या वेगळ्या आंगां भितरल्या गायन, वादन, नृत्य, नाट्य, लोकनाट्य असल्या कलात्मक आंगांचोय मुखेलतायेन उल्लेख जाता. केन्ना केन्ना धर्म म्हळ्यार संस्कृताय मानून बौद्ध संस्कृताय, किरिस्तांव संस्कृताय, वैदीक संस्कृताय अश्या उतरांचो आमी प्रयोग करतात. जाल्यार, जायते फावटीं दोतोरांची संस्कृताय, शिकोवप्यांची संस्कृताय, चोरांची संस्कृताय, वेपाऱ्यांची संस्कृताय अश्या उतरांतल्यान त्या त्या वेवसायाची विशिश्ट नीत ह्या अर्थान तिचो वापर करतात. अशे तरेन वेगळ्या वेगळ्या नदरांतल्यान 'संस्कृताय' उतराचो उपेग आनी वापर जाता.

संस्कृतायेंत मनीसजिणेच्या साबार आंगांचो आसपाव जाता. संस्कारक्षम मनाचेर भौतीक आनी भुगोलीक परिस्थिती, शिक्षण, धार्मीक आचार आनी दायजाक लागून जायते संस्कार जातात. ह्या संस्कारांक संस्कृताय म्हणूं येत. संस्कृताय ह्या उतरांतल्यान मनाची सुसंस्कृताय, मानसशास्त्र, अध्यात्म, वेदान्त, आत्मसाक्षात्कार ह्या साबार गजालिंचो बोध जाता. देखून संस्कृताय हे संकल्पनेची निश्चित आनी निर्णायक अशी व्याख्या दिवं येत अशें दिसना. मनीस जिणेचीं साहित्य, कला, गिन्यान, नीत बी आंगां मनशाच्या सांस्कृतीक वेव्हारांत आसपावतात. साहित्याचें माध्यम भास. हे भाशेचो संस्कृताये कडेन खूब लागिंचो संबंद आसता. साहित्याचो अभ्यास करतना भास आनी तिच्या घटकांचो अभ्यास करचो पडटा. साहित्य, कला हांतुंतल्यान संस्कृताय दर्शन प्रत्यक्षाप्रत्यक्ष घडटा. समाजाचे प्रगती-अधोगतिचो आलेख समजून घेवप शक्य जाता. देखूनच साहित्याच्या अभ्यासांत ताचे सांस्कृतीक फाटभुंयेचो अभ्यास म्हत्वाचो आनी गरजेचोय.

भारतीय संस्कृताय हे संज्ञेंतल्यान दायजान भारतियांचेर, तांच्या मनाचेर जाल्ले बरे संस्कारच अभिप्रेत आसात. तेच प्रमाण कोंकणी संस्कृतायेचे कोंकणी मनशाचेर जाल्ले संस्कारय अभिप्रेत आसात. तशें पळोवंक गेल्यार भारतीयत्वाचे साबार संस्कार कोंकणी मनशाचेर जाल्ले आसात. पूण त्या संस्कारां सांगातान अस्तमते संस्कृतायेचेय संस्कार आम्चेर जाल्यात. ताका लागून हेर भारतियां परस हांगासल्ल्या लोकांची जिविताची पद्दत, भास, खाण जेवण, चाल चलणूक, दादलो-बायलां मदले वेव्हार ह्या सगळ्यांचें वेगळेंपण जाणवता. ह्या वेगळेपणाचे हांगासल्ल्या साहित्यिकांचेरूय संस्कार जाल्यात.

'मनशान निर्मिल्लें पदार्थमय जग आनी कल्पनामय जग म्हळ्यार संस्कृताय' अशी इरावती कर्वे हांणी संस्कृतायेची व्याख्या केल्या. संस्कृताय एका मनशाची नासता, ती पुराय समाजाची आसता. संस्कृताय मनशाच्या जिविताक फाव तें वळण, मोडण दिता. तेच बरोबर, काळाक धरून संस्कृतायेची व्हांवती बदलपाची तांकय त्या त्या काळांतल्या व्हड मनशां मदीं आसता. उदक, हवा जितले सहजतायेन मनशाच्या जिविता कडेन संबंदीत आसता तितलेच सहजतायेन संस्कृताय मनशाच्या जिविताक भायल्यान भितरल्यान वेंगावन बशिल्ली आसता.

संस्कृतायेचीं आधिभौतिक, आधिदैविक आनी आध्यात्मिक अशीं तीन रुपां आसात. भायल्या संवसाराचेर फावो तो संस्कार करून ताका मनशाच्या जिविता खातीर जाय तसो करप हो संस्कृतायेचो आधिभौतिक भाग. हांतूंत शेतकामत, स्थापत्य, धातुकाम, यंत्रनिर्मणी, अर्थोत्पादन बी आसपावतात. देव-देवतांची पुजा, प्रार्थना, जप-तप, जादू, धार्मीक कार्यांतली भोगावळ बी हांचो संस्कृतायेच्या आधिदैविक आंगांत आसपाव जाता. जाल्यार, आपणाल्या मनाचेर आनी बुद्धिचेर संस्कार करून तांकां आत्मदर्शनाचे योग्यतायेक हाडप हो संस्कृतायेचो आध्यात्मिक भाग. धर्म, तत्त्वगिन्यान, नीतनेम, विद्या, कला, साहित्य, भास, शिश्टाचार, संस्कार बी हांतूंत आसपावतात.

भारतीय संस्कृताय ही वेल्या तत्त्वांनी घडल्या. तिचें उद्दिश्ट म्हळ्यार, लौकिक अभ्युदयाची साधना करता आसतना मोक्षाची सिद्धी हातासप आनी, आधिभौतिकाचो योग्य तो मान राखून आध्यात्मिक मुल्यांची प्रतिश्ठापना करप. देखूनच भारतीय संस्कृताय कर्म, भक्ती, ज्ञान, साधना, चारित्र्य आनी कला ह्या गजालींक वयलो पाट दिता. ह्यो कोंकणीच्योय विशेशतायो म्हूण मानपांत कसलींच अडचण आसा अशें म्हाका दिसना. पूण हातूंत प्रादेशीक वेगळेपण आसा. अनेकता ही संस्कृतायेची वस्तुस्थिती आशिल्ल्यान हांतूंत वांकडें कांयच ना. पूण राजकी आनी धार्मीक सत्तांक लागून कोंकणी संस्कृताय कांय बाबतींत मुखेल संस्कृताये पसून वेगळी जाल्या. पूण तरीकय उदेंत आनी अस्तंती संस्कृतायांचो समन्वय हेंच तिच्या चिरंतनत्वाचें प्रतीक आनी वेगळेपण. संस्कृताय म्हळ्यार विशिश्ट समाजाची एकंदर जिवीत पद्दत आनी तांतुंतलो भाशेच्या माध्यमान उकतो जाल्लो त्या जिविताचो अणभव म्हळ्यार साहित्य. तांतूंत मनशाच्या आनी तो रावता

त्या समाजाच्या भायल्या-भितरल्या भावजिविताचें दर्शन जाता. ते भायर उद्बोधन आनी आनंदनिर्मणी अशें कार्य ह्या साहित्या वरवीं सादता.

रवीन्द्र केळेकाराचें 'हिमालयांत' (१९७६), दिलीप बोरकाराचें 'गोमंचल ते हिमांचल' (१९८९), सुमेधा कामत हिचें 'विवेकानंदपुरमांत' (१९९३) आनी दत्ता नायकाचें 'कालीघाट ते करुणाघाट' (१९९५) आनी 'उंटाच्या देशांत' हें दामोदर मावज्याचें (अप्रकाशित) हीं भोंवडेवर्णनाचीं कोंकणींतलीं मुखेल पुस्तकां.

ह्या चारय भोंवडेवर्णनांनी कोंकणी संस्कृतायेचीं कांय खाशेलपणां जाणवतात. पूण ह्या लेखांत पयलें आनी निमाणचें अशा दोनूच प्रवासवर्णनांचो परामर्श घेतला.

रवीन्द्र केळेकार हे गोंयच्या गांवगिऱ्या वाटारांत जल्मून लेगीत तांचो राबितो गोंयच्या आनी उपरांत भारताच्या शारांनी आशिल्लो. गांवगिऱ्या वाटाराचे भुरगेपणांतले संस्कार आनी तांचे परिणाम तांच्या आचार-विचारांचेर आनी लेखनाचेरय जाल्ले दिसतात. देखून तांच्या भोंवडेवर्णनांत तशेंच ललित-निबंदांतय भारतीय संस्कृतायेच्या आधिभौतिक, आधिदैविक आनी आध्यात्मिक अशा तिनय आंगांचें दर्शन जाता. हिमालयांत पांयांनी भोंवडी करतना थंयच्या सैमाचें वर्णन आयलां, थंय आशिल्ल्या धार्मीक तीर्थस्थळांचें वर्णन आयलां तशेंच सांगातान चलपी आनी वाटेर मेळिल्ल्या हेर यात्रिकांचें चित्रण आयलां. तें वाचतना आध्यात्मिक आंगान सुसंस्कारीत जाल्ल्या गोंयकाराच्या मनाचें प्रभावी चित्र पळोवंक मेळटा. लेखक खंयच्याच धर्माचो बडवाचार मानिना पूण तरिकूय ताचो पिंड आध्यात्मिक आनी धार्मीकय बी हें पुस्तकांतले 'म्हाम्नी' वेल्यान जाणवता. पूण हें निखटे धार्मीकतायेन भरिल्लें मन न्हय. ताका बुद्धीवादाचीय देग आसा. देखून बरोवपी, मनशान भोंवडी कित्याक करपाक जाय हें सांगताच पूण ती करतना मनाचीं दारांय उकतीं दवरपाक जाय हें सुचयता. हिमालयांतल्या तीर्थस्थळांची भोंवडी म्हाताऱ्यांनी न्हय, तरण्या भुरग्यांनी करूंक जाय अशें तो म्हणटा. (पा.११६).

वाटेवेल्या ज्या ज्या धार्मीक थळांक तांणी भेट दिल्या तांचे फाटल्यो पुराण काणयो, आख्यायिका हांचेसयत तांचें इतिहासीक म्हत्वय ते वाचप्यांक सांगतात. तें वाचतना ही नदर धर्मभोळ्याची न्हय तर सश्रद्ध अशा बुद्धीवाद्याची हाचो अणभव मेळटा. देवतांच्यो काणयो समजून घेतनाय ते आधुनीक काळावेल्या बायलांचे सुवातेचेरय मार्मीक भाश्य करतात. केळेकारांचेर गांधी विचारांचो प्रभाव आसा. पूण तांच्या हेर बरपांत गांधीसांगातान बुद्ध आनी कृष्णाचोय प्रभाव तितल्याच प्रमाणांत आसा हें जाणवता. हाका लागून तांच्या साहित्याक एक आध्यात्मिक बसका मेळ्ळ्या. भारतीय संस्कृतायेच्या अंतर्विरोधी अशा तत्त्वविचारांक घेवन तांच्या व्यक्तिमत्वांतली चिंतनशीलताय लालित्यान आनी प्रासादीक रचनेंतल्यान उकती जाल्या. हें प्रवासवर्णन तांच्या मनाची अभिजातता, रसिकता आनी व्यापक अशे जिणे दिश्टिचे संस्कार उकतें करता. ताका लागून पान ४५त वर्णन केल्ले एके अनवळखी 'आवयक' 'हांव आसां... तुका हांव सगळे कडेन भोंवडावन हाडटां... तूं भियेवं नाका' अशें म्हणपाक ते पावचे नाशिल्ले.

गिन्यान म्हळ्यार भारतीय संस्कृतायेचो आधार. तातूंत कुड्डे श्रद्धेक सुवात ना. हे संस्कृतायेन सदांच मनशाचें बुद्धीक प्राधान्य दिलां. आमच्या धर्मांत बुद्धीचेंच अधिश्ठान आसा. ताका लागून संस्कृतायेच्या आचार विचारांत आयज मेरेन बदल जायत रावल्यात. धर्मांतय दोन वाटे आसात. यम-नियम. यमरूप बदलना. नियम बदलतात. सत्य, अहिंसा, दया, प्रेम, ब्रह्मचर्य, परोपकार हांकां यम म्हणटात. जाल्यार न्हावप, संध्या, पुजा करप, खावप जेवप, जानवें घालप बी गजाली नियमाच्यो. आमी यमाचो विचार करी नासतना नियमांचेय भोंवस्ताळे घेवन बसतात तेन्ना समाज अधोगतीक पावता. ह्या विचारांचें भान केळेकारांक आसा. (हाच्यो देखी: १४ पानावेलो 'कनखल' ह्या थळाच्या संदर्भांत वा पान १८-१९त हिंदुंच्या देवळांनी चलतात त्या फटिंगपणांचे संदर्भ आनी ताचेवेलें बरोवप्याचें भाश्य पळोवचें.)

कर्मयोग हो भारतीय संस्कृतायेचो आनीक एक विशेश. फळाची आस्त धरी नासतना कर्म करीत रावपाची ही शिकवण मनशां मनशां मदले संबंद जोडटा. अश्या कर्मयोगी मनशांचीं चरित्रां हे भोंवडेंत आयल्यांत. बरोवप्याचे आनी तांचे संबंद येवपाक, तांचे विशीं आपलेपण दिसपाक ह्या कर्मयोगाचोच संस्कार ताचेर आसपाक जाय.

ह्या भोंवडेवर्णनाचो अखेरय पळोवपा सारको. गंगोत्रीक पावता तेन्ना तांकां शंकराचार्यांची याद जाता. तांच्या हिंदुधर्म गिरेस्त करपाच्या कार्याची याद जाता. विघटीत समाज संघटीत करूंक ताणें 'पंचायतन पुजा' सुरू केली. हिमालयांत जंय जंय तिबेटांत वचूंक वाट फुट्टा थंय थंय तिर्थां वसयलीं. हाचें कारण, बरोवप्याच्या मतान, तांचो 'मिलिटरी माइंड.' ह्या सुवातिंनी सैन्यां दवरप म्हारग पडटलें तेन्ना ह्यो सुवातो 'जित्यो' दवरूंक जाय जाल्यार लोकांनी थंय येवन वचून रावंक जाय. ते खातिरच शंकराचार्यान हिमालयाचे यात्रेचो नेम घालून दिलो. बरोवपी म्हणटा, आपणांतल्या 'राष्ट्रवादाक काकासायबांक लागून जी सांस्कृतीक देख मेळिल्ली तिची बुनयाद हांगा घट जाली' (पा. ११६) आतां आपूण 'सौंदर्य रसिक' उरूंक ना, 'साहसप्रिय भुरगो'य उरूंक ना जाल्यार 'म्हज्यांतलो रचनात्मक क्रांतिकारी पुराय जागो जाल्लो.'

तांच्या ह्या 'रचनात्मक क्रांतिकारी' वृत्तिचो अणभव तांच्या ललित निबंदांतल्यान येता. 'उजवाडाचे सूर', 'सांगाती', 'घुस्पल्लें जानवें', 'सर्जकाची आंतरकथा' हे तांच्या निबंदांचे झेले कोंकणी साहित्यांत विशेश सुवातांचेर आसांत. ह्या साबार झेल्यांतल्यान तांणी कोंकणी संस्कृताय, कोंकणी समाज, गोंयकारपण, भौसाची लोकजीण, शारी संस्कृताय आनी अस्तमते कडली वेपारी संस्कृताय हांचेर बरयलां. ह्या बरपांतल्यान तांच्या व्यक्तिमत्वांतल्या वेगळ्या वेगळ्या तासांची वळख जाता आनी अशें दिसता, हो कोंकणी निबंध निखट्या गोंयाक न्हय तर पुराय भारताक आनी संवसारभराक लागतात अशे विचार घेवन वाचप्या मुखार येता. बरोवप्याचे शैलींत सहजताय आसा. भास, समाजकारण, अर्थकारण, पर्यावरण हांचेर उलयतना संस्कृत तशेंच हेर धर्मांतलें साहित्य तांणी वाचलां म्हणपाचें आकळटा. ते भायर त्या त्या धर्मांचीं तत्त्वांय पचोवन तांची सांगड तांणी हिंदू संस्कारां कडेन घाल्ल्याची जाणविकाय जाता. भारतीय संस्कृतायेंत जायते अंतर्विरोध आसात तांची जाण दवरून बरोवप्यान जिणे विशिंचें तत्त्वगिन्यान मांडलां. देखून तांच्या साहित्यांत वैचारिकतायेचे संस्कार घसघशीतपणान जाणवतात. रवीन्द्र केळेकारांच्या दोनूय तरांच्या साहित्यांतल्यान एक आंतरभारती संस्कारांचें, संस्कृतायेचें दर्शन घडटा. ह्या बरोवप्यान गोंयचे मुक्ती आदल्या समाजाचो अणभव घेतला तसोच गोंय मुक्ततायेचोय आनंद घेतला. ह्या दोनूय काळांतल्या संस्कारांचो समन्वय साधून तांणी आपणाल्या कोंकणी साहित्याच्यो सांस्कृतिक शिमो वाडट्यो दवरल्यात म्हणपाचें

जाणवता. अशे तरेचें चिंतनात्मक बरपावळिचें सलग अशें दायज कोंकणींत आजून तरी कोणें केळोवंक ना.

'कालीवाट ते करुणाघाट' हें पुस्तक कलकत्ता आनी संवसारांतल्या हेर कांय वाटारांनी केल्ले भोंवडेचें वर्णन करपी. कलकत्ता दर एकल्याक सादयता. ज्ञानार्थी, पोटार्थी, कांचनार्थी, रसीक, भणंग, कंगाल, खवैय्ये, भुकेल्ले, रोगी, भोगी, संत, दुर्जन अश्या ताच्या वेगळ्या वेगळ्या रुपांनी भुलून गेल्लो बरोवपी तांतल्या भकासपणान, ताच्या आरशाबुरशा रुपान खंती जाता. थंयचे कालीमातेचें स्वद्धेन भरिल्लें लखलखीत रूप ताका भुलयता तशीच करुणामयी मदर तेरेझाची करूण मूर्तय ताका ओड लायता. बेलूर मठांतय तो तेच उमळशिकेन वता जितलो हेर कडेन. पूण अशें करतना खंयच भावनाविवशताय दिश्टी पडना. दिसता तो बुद्धीवाद. विवेक. ह्या बुद्धीवादा बरोबरच - सौंदर्यासक्त मन, विचारी, संस्कारी मनाचो - जाला तो कलावादाचो संगम. ताचे मदल्या विचारवंताक, समाजसुधारकाक ह्याच शारान अर्थपूर्णताय दिल्या. हांगाच ताच्या वाचनाचेर, व्यक्तिमत्वाचेर प्रखर राष्ट्रवादाचो प्रभाव आसा हाचो प्रत्यय येता थंयच ताचेवेल्या युरोपी आनी बंगाली/भारतीय संस्कृतायेचो प्रभाव दिसता. देखून प्रत्येक सुवातेचें आनी वस्तूंतलें सौंदर्य ताका पयलीं जाणवता, उपरांत तांतली विदारक वास्तवता दिश्टी पडटा. सैमाचीं अप्रूप आनी तरल अशीं चित्रां तो रंगयता तेन्ना तें थळ खंयचें हाचें ताका पडून गेल्लें नासता. त्या थळाची सोबितकाय सोदची, पळोवंची आनी तिचो प्रत्यय वाचप्यांक दिवचो हेंच प्रयोजन ताचे फाटल्यान आसता. देखून आंबोली जितले रसिकतायेन, साकार जाल्या तशीच 'अमुरपिके आयतारां'तय रसिकतेची दाद मेळटा. लामांचें लडाख जशें साकार जाता तशेंच 'रूपगर्विता पॅरिस' आनी 'कामरुपा काठमांडू', 'मनाली'य साकारतात. ताचीं हीं वर्णनां म्हळ्यार गोंयच्या म्होंवाळ पणसाची आळी थंय व्हरून किल्लत घाल्या म्हणपाची एक भावनीक जाणविकाय. ताची सैमाची आंतरीक ओड आनी सौंदर्यभोगी वृत्ती पाना कणकणीं दिसता तेन्ना कन्याकुमारी मेरेन पाविल्ली कोंकणीची सासाय आतां हिमालयाचे पलतडींय पावल्या म्हणपाची खोस वाचप्यांक जाल्यार अजाप न्हय.

बरोवप्याचो वाचनाचो व्यासंग डोळस. ताका लागून जें वाचता तें पारखून पचोवपाची तांक ताच्यांत आसा. खंयचेय गजालिचे अनुभुतींतल्यान मार्मीक आनी विदारक पूण वास्तवपूर्ण भाश्य तो करूंक शकता. काव्यमय पूण प्रखर वास्तवतायेची जाणविकाय करून दिवपी भारताचें चित्रण हें ह्या पुस्तकाचें खाशेलपण कोंकणी संस्कृतायेच्यो प्रगत शिमो तें वाडयता अशें म्हळ्यार अतिताय जावंची न्हय.

विष्णू नायक संपादीत 'स्वातीं'तले, दत्ताराम सुखठणकाराल्या 'मात्री पुनवें'तले आनी लक्ष्मणराव सरदेसायांचे 'खबरी कांय कर्माच्यो कांय वर्माच्यो' हांतुंतले निबंद वाचतकच २०व्या शतमानाच्या पूर्वार्धांतले कोंकणी संस्कृतायेची वळख जाता. गोंयच्या समाजाचेर ह्या काळांत पुर्तुगेज राजवटिचो शेक चलतालो तेन्नाच्या कांय गजालिंची याद जाता. देखीक, 'पदेर, गोंयचो देमांद, देमांदिस्त'. लुसियो रॉड्रिक्स, सुखठणकार आनी सरदेसाय त्या तेंपावेल्या वसाहतवादी संस्कारांची याद करून दितात. 'ते फिरंगी गेले आनी ते उंडेय गेले' ही गोंयांत आजुनय चलपी म्हण वा 'पोर्तुगाली जाम, पोर्तुगाली आबोलीं, पोर्तुगाली म्हसगां सांगो' अशी त्या वस्तुंची वेगळीकाय दाखोवपी वाक्यरचना म्हळ्यार संस्कृतायेची कुरूच ! तेन्नाच्या क्रिस्तांव समाजाचें जिवीत पदेरान इतलें व्यापिल्लें की तो येना जाल्यार, ताचे उंडे नात जाल्यार तांचीं लग्रां, फेस्तां, परबो सोबनाशिल्ल्यो. पदेराचीं कांकणां खाले बगर भुरग्यांचें भुरगेपणय सोबनाशिल्लें. बोल दिना जाल्यार काजाराचें वजें सोबनासलें. जाणटे तशे नेणटे, गरीब तसो गिरेस्त सगळ्यांचेंच जिवीत ह्या पदेरान आपणाल्या पाट्यांत आनी दांड्याच्या तालांत झेलयल्लें. 'पदेराचें काल्सांव', 'सुलच्या पदेरान खांव' ह्यो कांय पती वाक्प्रचारांच्यो. फिरंगी गेले खरे पूण तांणी हाडिल्ले उंडे मात हांगाच उल्ले आनी आतां ते 'सर्वधर्म समभावा'न पातळ्ळ्यात.

पोर्तुगीज संस्कृतायेचें आनीक एक गार्फ म्हळ्यार देमांद. ह्या देमांदान गोंयकारांक इतले गुठलायल्यात की तांच्या रगतामांसांत आनी पिळग्या पिळग्यांनी ह्या देमांदाच्यो २५-३० वर्सां विलंबीत लयेन चलपी केशी चलोवपाची कापास्ताद आयल्या. सेलाद फोलीवेल्या रेक्रामेंतान सुरू जाल्ल्या ह्या यज्ञांत इस्क्रिवांव, ताबेलियांव, एजेकुसांव, इंतिमरांव, प्रोकुरसांव, खुस्तमुल्त, प्रेपार, देपोस्त, आरेस्त अशें सगळें येता. आयजय हांतलीं जायतीं उतरां गोंयकारांचे जिबेर घोळटात.

कोंकणी संस्कृतायेचें वर्णन ललीत निबंदांतल्यान आनीक एके तरेन जाल्लें आसा. तें म्हळ्यार वेवसायाचेर आधारीत मनशांचेर. म्हालो, मडवळ, गोंयचो शेट, भगत अशे कांय वेवसायीक लोक. तांच्या वेवसायांक लागून तांच्यो वृत्तीय विशिश्ट घडल्यात. तांचेर बोट दवरपी हे निबंद.

कोंकणी समाजान कांय गजाली जाणविकायेन भायर मारल्यो आनी कांय नव्यो गजाली आपणायल्यो. पूण ताकाच लागून वेगळ्या वेगळ्या धर्माचें, जातिंच्या पंगडाचें एकठांय अस्तित्व कशें शक्य जालां तें कळटा. कोंकणी समाजा विशिंचो आनी मानववंशशास्त्राचो अभ्यास करतना गोंयच्या साहित्यांतल्यान दिसपी समाजाच्या विशेशतायांची नोंद घेवपाक हे निबंद उपकारा पडटले. भारतीय समाजांतल्यो वेगळ्यो वेगळ्यो जाती आनी उपजाती समाजांतलो आपलो पांवडो सांबाळून आशिल्ल्यो. पूण नवे राजवटींत मात एकाद्रो धंदो विशिश्ट जातीन वा पिळग्यां फाटल्यान पिळग्यांनी करपाची बंधनां उरलीं नात देखून आयज गोंयांत कोणूय कसलोय धंदो करता. धंद्यांतल्या ताच्या 'स्पेशलायझेशना'क लागून ताचो समाजांतलो पांवडो थारताच अशें ना. आदल्या गोंयच्या मानसीक आनी सांस्कृतीक जिविताचें वेगळावं नज अशें आंग आशिल्ले हे घटक ह्या समाजाचें वेगळेपण सिद्ध करपी थारल्यात. त्याच सांगातान बरोवप्याच्या व्यक्तिमत्वाचेर देशीपणाचे संस्कार करपी थारल्यात. हीं चित्रणां म्हळ्यार आत्माविश्कार करपी भावनिबंद. ती बरोवप्यांच्या आत्माविश्काराचीं विंगड तासां दाखयतना तांचे जिणेचेर प्रभाव घालपी मनशांचें रूप दाखयतात.

बायलांनी बरयल्ल्या निबंद लेखनाचो विचार केलेबगर हो लेख सोंपोवप म्हळ्यार हांवेंच म्हजेर अन्याय करप. देखून 'भुंयचाफीं' आनी 'करबट' हे अनुक्रमान शीला नायक आनी जयमाला दणायत हांणी बरयल्ल्या झेल्यांच्या आदारान कोंकणी संस्कृतायेच्यो शिमो सांसपुपाचो यत्न करतां.

कोंकणी संस्कृतायेंत लग्न जाल्ली चली आपलें घर सोडून घोवाच्या घरा वता. तेन्ना थंयच्या अनवळखी मनशांत आनी वातावरणांत भरसून वचपाक तिका कळाव लागता. दादल्यांचें तशें नासता. देखून नव्या वातावरणा कडेन मेळोवन घेवपाक जीं मानसीक स्थित्यंतरां तिका भोगचीं पडटात तीं तिच्या जिवितांतली एक परिक्षाच कशी. ताका लागून बदलिल्ल्या वातावरणांत सगळ्यांक सांबाळून घेवन आपली सुवात थिरावप ही तिच्या

जिवितांतली क्रांतीच. आवय बापूय पयसावल्यात आनी घोव सोडल्यार आनीक कोणूच लागिंचो ना. घोवाचीय पुराय वळख नाशिल्ल्यान तोय अनवळखीच. हे परिस्थितींत घोवाक सर्वस्व मानून थंयच रावप आपलें कर्तव्य. तो कसोय आसलो तरी आपलोच मानप अशे संस्कार भारतीय अस्तुरेच्या आयुश्याचेर जाल्ले आसतात आनी ह्याच संस्कारांक पाळो दीत चित्रायल्लीं कांय व्यक्तिचित्रणां दिसतात. 'नातें, अशी आमची बाईबाय, आनी म्हजें बॅग शेणटा' (करबट) 'आशा, सीमा, तन्वी, मंदा (भुंयचाफीं) ह्यो कांय पती जाल्यार 'रोशन, सोदता मूय साकरेकण...' अशे कांय शारी फाटभुंयेचेर आदारिल्ले निबंद.

दोगीय लेखिका लग्ना उपरांत मुंबय राबितो करून आसात. तशे दत्ताराम सुखठणकार आनी अ.ना. म्हांबरोय मुंबयच आसतात. पूण ह्या साबारांक गोंयची ओड लागिल्ली दिसता. 'माशेल', 'जेवनूच वच रे' हे तांचे निबंद गोंया विशिंचे भावुकतायेन आनी थंयचे संस्कृतायेचेर उजवाड घालपी निबंद. आदल्या गोंयचें सांस्कृतीक गिरेस्तपण आतां उरूंक ना हाची खंत बाळगुपी. देखून तांच्या निबंदांतल्यान थंयचे संस्कृतायेचें दर्शन जशें जायना तशे हांगाचे संस्कृतायेचेर थंय जाल्ले परिणामय उकते जायनात. पूण दणायत आनी कोळंबकार हांच्या निबंदांतल्यान थंयच्या कांय अणभवांचे, ते जिणेचें चित्रण जालां. तांतुंतल्यान जाणवता ती दोगांयची भावुकता. ज्या वाटारांत तीं रावतात थंय साहित्याच्या - नव साहित्याच्या मळार जायत्यो घडामोडी आनी चळवळी, नवे प्रयोग जायत आसात. तांचो परिणाम थंयच्या कोंकणी बरोवप्यांचेर कितलोसो जाला हो प्रस्न पडटा. रवीन्द्र केळेकारांच्या निबंदांतल्यान, दत्ता नायक, सुमेधा कामतीच्या भोंवडे वर्णनांतल्यान येवपी चिंतनशीलताय हांच्या निबंदांनी दिश्टी पडना.

एखाद्रो मनीस ताच्या भायल्या भितरल्या आंतरीक रुपान वाचप्यां मुखार दवरपाची तांक शीला कोळंबकारांत जाणवता. ताका लागून रोशन, तन्वी, सुमन सारक्यो चलयो, फांतू, आंजेल हीं नव्या काळांतलीं पात्रां ह्या निबंदझेल्यांत येतात. तांचे वागणुकेंतलो बदल हांगा दाखयला. अशे तरेचो बदल समाजशास्त्रीय बदल जावं येता. पूण ही मूल्यात्मक संस्कृताय न्हय. मुल्यात्मक नदरेन तांचे कडेन पळयतना आदल्या शेंकड्यांतल्या सामाजीक बदलाक लागून निर्माण जाल्ले परिस्थितीक साद दिवपा खातीर ते परिस्थितींतल्यान नवी संवेदनशीलताय आनी मूल्यदृश्टी आपणायल्ली आसता ताका मूल्यात्मक संस्कृती म्हणटात. अशी संस्कृती ह्या बरपांतल्यान उकती जाता व्हय? मुंबयच्या शारी जिवितांत रावनूय अशीं मूल्यात्मक चित्रणां हांगा येवंक नात. थंयच्या कॉस्मोपॉलिटन संस्कृतायेचेय संस्कार हांतूंत खंय दिसनात. अशें कित्याक हे फाटलीं कारणां सोदपाचो प्रयत्न करतकच म्हाका अशें दिसता की, साहित्य हें आपणाले भुंयेचेरच आनी आपणाल्या भाशीक वाटारांतच व्हडा दिमाखान उबें रावता. आपणाल्या वाटाराच्यो, इतिहासीक, भुगोलीक आनी सामाजीक संदर्भाच्यो कुरवो बरोवप्याचे विचारशैलीचेर, अभिव्यक्ती शैलीचेर आनी भास, प्रतिमाशैलीचेर शेक गाजयत आसतात. साहित्याचो नोबेल पुरस्कार घेवपी नायपॉलाच्या साहित्यांतल्यानय ताचेवेल्या भारतीय संस्कारांचोच आविश्कार जाला. हाचेवेल्यानच ताका भारतीय म्हणप? ताच्या साहित्यांतल्यान भारतीय संस्कृताय दिसता म्हणप कांय ताच्या साहित्याच्यो सांस्कृतीक शिमो भारता मेरेन पावल्यात म्हणप हो प्रस्न पडटा.

संस्कृताय म्हळ्यार निमाणें कितें? जी जीण हिंदू तत्त्वगिन्याना कडेन लागसारपण दवरता ती हिंदू संस्कृताय? कांय अशें बंधन दवरिनासतना मनीसपणाक पाळो दिता तीच संस्कृताय? जळींमळीं दिसपट्टी जीण जगपी मनशाची संस्कृताय जर हिंदू वा किरिस्तांव वा बुद्धधर्मी नासत जाल्यार तिची व्याख्या कशी करतले? तांची ती जीण 'संस्कृताय' न्हय तर? आदिवासी संस्कृताय, निग्रो संस्कृताय मागाशिल्ली अशें म्हणटा आसतना आमकां कितें अभिप्रेत आसा, अशे कांय प्रस्न उप्रासतात. आनी निमाणें, वास्तवदर्शी साहित्यच तिगता ह्या निश्कर्शा मेरेन मन पावता. ह्या साहित्याक प्रादेशिकतायेच्यो शिमो आसल्यो जाल्यारय अशे तरेचे साहित्यीक, साबार साहित्यीक आनी राजकी शिमो हुपून सबंद समाजाक एकठांय हाडपी दुवे थारतात. नवी संवेदनशीलताय आनी मूल्यदृश्टी हांकां म्हत्व दिवपी साहित्यकृती श्रेश्ठ थारता. तीच कृती संस्कृतायेची सिद्धी करता. साहित्य आनी संस्कृतायेंतल्या संबंधाची खरी मोख हीच. हे मोखिचें आकळन जावप होवूय सांस्कृतीक संस्कार. ह्या संस्काराचेरूच साहित्याचें सांस्कृतीक म्हत्व निंबून आसा.

***

---

पुस्तकां रचतल्याचे भाशेंत एकेतरेची घरगुताय आसूंक जाय. तशी घरगुताय दिसून आयल्यारूच लोकांक ताचीं पुस्तकां वाचीनशीं दिसतात. परंत बरोवचेली भास आवय-भास आसल्याबगर ती घरगुताय कोणाक शिकून येना. माथें खरपून आनी कान खाजोवन परके भाशेंत पुस्तकां बरयलीं म्हणून तीं रुचीक जायनात. ती अडेची करणी जाता... गोंयकारांनीं मराठी आनी फिर्डी ह्यो आपणाल्यो आवयभासो म्हणून कितलीय हुयेली माल्ली तरी ज्ञानोबा, मुकेश्वर, वामन पंडित, जिल विसेन्त, सा द मिरान्द आनी कामोंयस जावपाचें ताणीं सपनांतूय हाडचें न्हय... गोंयकारांक संवसारांत वयर माथें काडचें आसल्यार ताणीं परक्या भासांक आपले बुद्धिची स्वतंत्रताय विकून खांकनवाळ जांवचे भाशेक आपणाले आवय-भाशेचो म्हणचे कोंकणिचोच ताथो माथो करचो. ते भाशेंत बरोवंक तांकां स्फूर्त जातली. ते घरगुतायेन आनी मेकळेपणान बरयतले, नामना जोड्टले आनी जल्मभुंयेचो लोकीक गाजयतले.

**- शणै गोंयबाब**